**PONDA SCHOOLS' ASSOCIATION**

**JOINT FIRST TERMINAL EXAMINATION OCT, 2018**

Marks : **100** Sub : **KONKANI (T. L.)** STD. : **X**

Date : **30/10/2018** **Seat No.** [ ] [ ] [ ] [ ] TIME : **2½ hrs**

१. क) **सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय विधानामुखार बरोवन वाक्य पुराय बरयात :** ३

अ) एका मोटारकार शेजाऱ्यान आपले गाडयेंत बसोवन बरोवप्याक ----------------------

१. घरा व्हेलो.

२. दोतोरागेर व्हेलो.

३. बस स्टँडार व्हेलो.

आ) बाबूमाम नव्या सोमाराची संद पळयतालो आनी -----------------------

१. अहिंसेच्यो पोक्यो बडायो मारतालो.

२. देवाक पयल्या पणसुलाचो निवेद दाखयतालो.

३. रूचीन तरेकवार पकवन्ना करून खातालो.

इ) शेजारी आनी गुरूजी रागारागान रामनाथागेर आयले कित्याक तर -----------------

१. तांका नाच पळोवपाचो आसलो.

२. तांका निर्णय सांगपाचो आसलो.

३. तांका कापसाचे गुठले दिवपाचे आसले.

ख) **सकयल दिल्लीं विधानां कंवसांत दिल्ल्या पाठांतलीं आसात. तीं वळखून त्या पाठांच्या बरोवप्यांचीं नांवां बरयात :** २

(फाल्यांच्यान विडी बंद, चुकिल्ली वाट, बाबुमामालो पणस, हो वसो आयलो कसो)

अ) सुनेन बोवाळ करून दोतोराक आपोवन हाडलो.

आ) त्या दोतोराक सोदून काडपाचो वावर मागीर घरच्यांचेर पडटा.

ग) **सकयल दिल्लीं खंयचींय तीन विधानां कोणें कोणांक म्हणल्यांत तें बरयात :** ३

अ) "सायबा म्हज्या! वाट चुकलो तू ?"

आ) "म्हाका थंय बेगीन पावूंक जाय."

इ) "वेस्टर्न संगिताची हीच स्पेशलिटी."

ई) "पूण तूं ही विडी सोड पळोवया."

क) **सकयल दिल्ल्या खंयच्याय चार प्रस्नांच्यो जापो दरेकी ८ ते १० उतरांनी बरयात :** ४

अ) दोतोरान बरोवप्याचो गळो तपासुन कितें सांगलें ?

आ) हॉलंडाच्या लोकांक कसले तरेचें चीज आवडटा ?

इ) कामणें मावशेन कसली युक्त काडली ?

ई) मनशान आपलें खंयचें तडडकी मत बदलूंक जाय ?

उ) शेतांत काम करपी मनशाचे खुशालकायेक केन्ना शीम मेर उरना ?



Scanned by DocumentScanner | Lufick

ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी ४० ते ४५ उतरांनी बरयात : ८

अ) बरोवप्याक ॲमस्टरडॅमाक कसलो मजेदार अणभव आयलो ?

आ) कल्पनाचें जिवीत आमकां कितें देख दिता ?

इ) गोंयची माती कलेक कशी पोसवण दिता ?

३. क) सकयल दिल्ल्या 'ब' गटांत कवितेचीं कडवीं दिल्यांत आनी 'भ' गटांत तांचो अर्थ दाखोवपी वाक्यां दिल्यांत. त्या त्या कडव्यामुखार अर्थ बरोवन वाक्यां जुळयात : २

| ब | | भ |
|---|---|---|
| अ) तरातरांची धर्म निश्टा तरातरांच्यो भासो | १. | भाशेकडेन कोणाचीच निश्टा ना. |
| | २. | म्हज्या लोकांचें मन तुज्या इतलें व्हड कर. |
| आ) म्हज्या समेस्त पेल्यांक तूं तुजी उंचाय दी | ३. | मनशाच्या जीणेचीं फकत चार नांवां आसात. |
| | ४. | म्हज्या लोकांक तुज्या इतलें व्हड कर. |

ख) सकयल दिल्ल्या कवितेच्या वळिंतल्यो रित्यो सुवाती कंसांत दिल्ल्या फावो त्याच उतरांनी भरून वळी परत बरयात : २

अ) भारतीय सगले आमी ---------- आमचो एक. (जीव.प्राण.आत्मो)

आ) पिकेवेल्या खर वतांत बागवतात ------- शेतां. (तन्नीं.पिकीं.रानां)

ग) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी ८ ते १० उतरांनी बरयात : २

अ) ध्येयवादी मनश्याची वाट कशी अडूं येता ?

आ) व्हांवत्या न्हयांकडेन कवी कितें मागता ?

इ) बाबुलो दुयेंत आसतना मायन ताची सेवा कशी केल्या ?

घ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय तीन प्रस्नांच्यो जापो दरेकी २० ते २५ उतरांनी बरयात : ६

अ) वड अनंत वर्सां कितें कितें करीत आयला?

आ) आमचो देश एकचाराचो हारसो अशें कवी कित्याक म्हणटा?

इ) कवी रमेश वेळुस्कार आपल्या पेल्यांच्या काळजांत कितें रूजोवंक सोदता ?

ई) ''कुच्छित्रांचे दोमळे घास मारतले'' हे वळीचो अर्थ स्पश्ट करात ?

४. क) सकयल वाक्यांत आडी मारील्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंसांत दिल्ल्या वाक्प्रचारांचो वापर करून विधानां परत बरयात : २

(गांठीक मारप, मळबभर खोशी जावप, मातयेभरवण जावप, ऱातीचो दीस करप)

अ) शेवतून खुब कश्ट करून आपल्या भुरग्याक शिकयलो.

आ) आजेन आपल्या नातरांखातीर थोडें भांगर सांबाळून दवरिल्लें .

ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांचीं उरफाटया अर्थाचीं उतरां बरयात : २

अ) उदारो आ) थंड इ) पलतड ई) बेशिस्त



Scanned by DocumentScanner | Lufick

ग) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांचीं विशेशणां करून बरयात : २

अ) पातक आ) त्याग इ) मोल ई) मोग

घ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांचीं भावनामां करून बरयात : २

अ) शितळ आ) रूंद इ) मनीस ई) धादोशी

५. क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय स वाक्यांत कंसांत दिल्ले सुचवणेप्रमाण बदल करून बरयात : ६

अ) घरा मुखार सोबीत फुलांफळांचीं झाडां आसलीं. (आडी मारिल्ल्या उतरांची जात बरयात.)

आ) कच्च करून ब्रेक मारून गाडी थांबली. (अव्यय वापरून दोन विधानां करात.)

इ) हे वर्सा थोडो पावस पडलो ना. (अर्थ बदलिनासतना वाक्य हयकारी करात.)

ई) भारताक वस्तादपण मेळसर हांव निवृत्त जावचो ना . (लिंग बदलून बरयात.)

उ) देवाचें गाराणें चालू आसलें. (वचन बदलून बरयात.)

ऊ) रस्त्यार भुरग्यांचो एक पंगड आसा. (वाक्य भविश्यकाळांत बरयात.)

ए) शंबर ना हरकत जगूंक आतां वर्सां . (उतरांची फावो तशी मांडणी करून वाक्य बरयात.)

ख) सकयल दिल्लीं खंयचीय दोन अव्ययां वापरून दरेकी एक-एक वाक्य घडोवन बरयात : २

अ) आरेरे ! आ) वयर इ) देखून

६.क) सकयल दिल्लो संवाद भोवंडेकार आनी संजय हांचे मदीं आसा. तो तुमच्या उतरांनी पुराय करून परत बरयात : ४

भोंवडेकार : आरे बाबा तुजें नांव कितें?

संजय : -----------------

भोंवडेकार : म्हाका दुदसागर घसघशार वचपाची वाट दाखयशी?

संजय : ----------------------

भोंवडेकार : थंय रावपाची सोय आसा ?

संजय : -----------------------

भोंवडेकार : देव बरें करू.

ख) परिक्षेंत गणित पेपर जाल्या उपरांत दोन इश्टां मदीं जाल्लो संवाद ५-६ वळिंनी बरयात : ४

७. क) सकयल दिल्लो उतारो वाचून सकयल दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयात :

विजयनगरचो नौदल मुखेली तिमय्यान गोंयचो भाटकार म्हाळ पैकडेन संधान बांदून आदिलशाहाक हांगासावन धांवडावपाक आल्बुकेर्काक गोंयांत आपयलो. १५१० वर्सा आल्बकेर्कान तिसवाडी जुवें जिखलें. पोर्तुगेजानी गोंयांतल्या ब याचशा हिंदू आनी मुसलमानांचें ख्रिस्तीकरण केलें. नवीं नांवां दिलीं. देवळां मोडलीं. इगर्जी बांदल्यो. अशा वेळार हिंदू गोंयकार देव देवतांच्यो मुर्ती घेवन अंत्रुज म्हालांत गेले आनी तांणी थंयच्या वाठारांत देवळां उबीं केलीं. गोंयांत पोर्तुगेजानी कांय बदलूय घडयले.गोंयांत तांणी समान नागरी कायदो लागू केलो.आशिया खंडांतलो पयलो छापखानो १५५६ वर्सा तांणी गोंयांत हाडलो. आशिया खंडांतलें पयलें वैजकी म्हाविद्यालय १८४२ वर्सा तांणी गोंयांत उबें केलें.



Scanned by DocumentScanner | Lufick

प्रस्न :

अ) 'चारूय वाटानी उदक आनी मर्दी भूंय' ह्या उतरपुंजाखातीर खंयचें उतर ह्या उताऱ्यात आयलां ? १

आ) पोर्तुगेजानी गोंयांत खंयचे बदल घडयले ? १

इ) आल्बुकेर्क गोंयांत कित्याक आयलो ? १

ई) गोंयच्या वैजकी म्हाविद्यालयाचें खाशेलेंपण कितें ? १

**ख) सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचो कोंकणीत अणकार करून बरयात :** २

River Ganga is considered to be a sacred river. A number of holy places are situated on its bank.

**ग) सकयल दिल्ल्या मुद्यांच्या आदारान योग्य माथाळो दिवन सुमार १०० उतरांनी काणी बरयात :** ५

एक जाणटी बायल ---- एकलोच भुरगो --- सोरपान घास मारून मरप ---- बुध्दाकडेन वचून जितो करपाचें वखद मागप ---- बुध्दांन उपाय सुचोवप ---- ज्या घरात आतामेरेन कोणूच मरूना त्या घरातल्यान मूठभर तांदूळ हाडपाक सांगप --- जाणटे बायलेचें भोवप ---- एकूय घर मेळप ना ---- विरूस जावन बुध्दाकडने परतप ---- बुध्दांन तिका समजावप शांत जावन परतप --- देख .

**८. क) तूं अंकित/अंकिता कवळेकार रावता साई निवास. तरवळें-शिरोडें. गोंय. कम्प्युटराचें म्हत्व सांगपी चीट तुज्या धाकल्या भावाक बरय :** ५

**वा**

तूं जॉन/जॉनिता कार्दोज़ रावता सांतेमळ राय-गोंय. तुमगेल्या रस्त्यावयल्या गटारांतले घाणीचो खूब त्रास जाता म्हूण ताचेर उपाय घेवपाक पंचायतीच्या सरपंचांक चीट बरय.

**ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर निबंद बरयात :** ७

अ) शिस्त आयची व्हड गरज | आ) वडाच्या झाडाची आपजीण

इ) हॉस्पिटलांत एक वर | ई) म्हजो आवडटो बरोवपी

★



Scanned by DocumentScanner | Lufick